21th June 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आयज विशाखापत्तनमांत तीन लाखांवयर, लोकां वांगडा योग करून, 11व्या आंतरराष्ट्रीय योग दीस निमतान राष्ट्राचें फुडारपण केले.
- इस्रायल आणि इराण हांचेमदी सुरू आशिल्या संघर्षाक लागुन, ऑपरेशन सिंधु खाला, इराणांतल्या 517 भारतीय नागरिकांक आतां मेरेन मायदेशात हाडल्यात.
- भारतीय हवामान खात्यान मध्य प्रदेश, उदेंत उत्तर प्रदेश आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांनी, आयज घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.
- पॅरिस डायमंड लीग 2025 सर्तीत, भारताचो स्टार नीरज चोपडान, दादल्यांच्या भालाफेक सर्तीत जैत जोडलें.

योग - 190

आज हजारांनी सहभागी, प्रतिष्ठित ऐतिहासिक स्थळांचेर, योगाचो सराव करतले. आंतरराष्ट्रीय योग दिस मनोवपाक देशभरात, वेगवेगळ्या सुवातीनी योग सत्रांचे आयोजन केला. भारतीय पुरातत्व सर्वेक्षण, आयुष मंत्रालयाच्या सहकार्यान, योग तत्वज्ञानात खोलायेन रुजील्या समग्र भलायकी आणि पर्यावरणीय जाणीवेचे महत्त्व अधोरेखित करपी योग सत्र, आयोजित केल्यात. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी विशाखापट्टणमातलान, ११व्या आंतरराष्ट्रीय योग दिसाच्या राष्ट्रीय उत्सवाचे फुडारपण केले. गुजरातांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या मूळ गांवांतल्या, वडनगरांतल्या शर्मिष्ठा तळ्यांकडे 11व्या आंतरराष्ट्रीय योग दीसाचे राज्य पांवड्यावेलो उत्सव आयोजीत केला. "एक धर्तरी - एक भलायकी" हया विशयाचेर आदारिल्ल्या हया कार्यावळीचें फुडारपण मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल करतात. भलायकी मंत्री हृषिकेश पटेल, खेळां राज्यमंत्री हर्ष संघवी आनी हेर मानेस्तूय हाजीर आसात. अहमदाबादांत जावपी योग कार्यावळींत केंद्रीय

घरमंत्री अमित शाह हाणी वांटो घेतलो. गोयातुय संवसारीक योग दिसा निमतान, आयज मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत ह्यांच्या फुडारपणा खाला योगा सत्र आयोजित जाले. योग दिसाच्या महत्वाविशी उलयताना नवीन आनी नवीकरणीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक हाणी म्हणले, की योग आमकां स्वता कडेन, हेरां कडेन आनी देवा कडेन जोडटा. भलायकी बरी रावपा खातीर आमी दर दिसा योग करपाची गरज आसा, अशें आंतरराष्ट्रीय योग दिसा निमतान बॅसिलिका ऑफ बोम जिजस इगर्जेंत आयोजित, योग कार्यावळीत उलयताना श्रीपाद नायक हांणी सांगलें.

(Byte – Shripad Naik)

सिंधु -80

भारतीय नागरिकांक घेऊन वचपी एक विमान, तुर्कमेनिस्तानच्या अश्गा-बातल्यान सकाळी नवी दिल्लीत पावले आणि ताचे आदि एक विमान, इराणच्या मशद हांगच्यान आयले. हाचे सयत ऑपरेशन सिंधु खाला, इराणांतले 517 भारतीय नागरिक आतां मेरेन आपल्या घरा परतले. इस्रायल आणि इराणमदी सुरू आशिल्या संघर्षाक लागुन, इबाडिल्ली परिस्थिती लक्षात घेवन, इराणातल्यान भारतीय नागरिकाक भायर काढपाक, देशान ऑपरेशन सिंधू सुरू केला. इराणतल्या भारतीय नागरिकांक आपत्कालीन हेल्पलाइनी वरवी आणि नवी दिल्लीतल्या परराष्ट्र मंत्रालयान स्थापन केल्या नियंत्रण कक्षावरवी, तेहरानातल्या भारतीय दूतावासाच्या, संपर्कात रावपाचो सल्लो दिला.

सोनोवाल - 80

केंद्रीय बंदर, जहाजबांधणी आणि जलमार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हाणी महाराष्ट्रातलो मुखेल बंदर प्रकल्प, जलद,गतीन पूराय करपाक केंद्र आणि राज्य विभागांमदी समन्वित प्रयत्नांची गरज आशिल्याचे म्हळां. मुंबयत बंदर आणि किनारपट्टी विकासाविशी, केंद्रीय आणि राज्य अधिकाऱ्यांच्या संयुक्त बसकेचे अध्यक्षपदार सोनोवाल हाणी, महाराष्ट्राच्या सागरी पायाभूत सुविधांचे धोरणात्मक महत्त्व अधोरेखित केले. बंदरांक रेल्वे आणि रस्ते जोडणीकडेन जोडपी प्रकल्पांक जलद मंजुरी दिवपाचे आवाहन केले.

महाराष्ट्रात सागरमाला कार्यक्रमांतर्गत मंजूर जाल्ले सगळे प्रकल्प, २०२६ मेरेन पूराय करचे हाचेर ताणी भर दिला.

मूरमु - 100

तीन दिसांच्या डेहराडून दौऱ्यार आयिल्ली, राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी देहराडूनात राष्ट्रपती तपोवन आणि राष्ट्रपती निकेतनचे उक्तावण केले. ताणी अभ्यागत सुविधा केंद्र आणि कॅफेटेरिया सयत भौशीक सुविधांचे लेगीत उक्तावण केले. राष्ट्रपतीनी राष्ट्रपती निकेतन उद्यानाची बुन्याद लेगीत घाली. या वेळार राष्ट्रपती निकेतन, तपोवन आणि राष्ट्रपती उद्यानाच्या जैवविविधतेचेर आधारित पुस्तकाचे प्रकाशन केले. या पुस्तकात राष्ट्रपती निकेतन, तपोवन आणि बागेतली ३०० परस चड वनस्पती आणि १७० परस चड प्रजातींची वळेरी आसा. राष्ट्रपती तपोवन, २४ जूनपासून आणि राष्ट्रपती निकेतन १ जुलैसावन सर्वसामान्यांसाठी उक्ते करतले. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी देहरादूनात दृष्टिहीन व्यक्तींच्या सक्षमीकरण संस्थेक लेगीत भेट दिली. ह्या वेळार उलायतान तीने सांगले, कि

(Byte – President Murmu)

पीयूष गोयल - 50

भारत बेगीनूच संवसारीक नवनिर्माणाचें केंद्र जातलो, अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां. फुडल्या 15 वर्सांत भारत इनोव्हेशन परिसंस्थेत व्हड प्रमाणांत गुंतवणूक करतलो, अशे लंडनांत जाल्ल्या फ्युचर फ्रंटियर्स फोरमांत तांणी सांगलें.ह्यावेळार लंडनांतल्या सायन्स म्युझियम गटाचे संचालक सर इयान ब्लॅच-फोर्ड वांगडा ते संवाद सादतालें.

इराण अणुकेंद्रीय -

आंतरराष्ट्रीय अणुऊर्जा एजन्सीचे सरसंचालक राफेल ग्रोसी हांणी, इराणी अणुकेंद्रीय सुविधांचेर, इझ्राएलान केल्ल्या हल्ल्यांतल्यान, अणुकेंद्रीय दूषिततायेचो धोको आसा, अशी

शिटकावणी दिल्या. इराणांतल्या अणुकेंद्रीय सुवातींचेर जाल्ल्या हल्ल्यांक लागून, देशांतल्या अणुकेंद्रीय सुरक्षेंत व्हड प्रमाणांत उणाव आयला. पूण आतां मेरेन ताका लागून रेडियोलॉजिकल रिलीज जावन, ताचो परिणाम भौसाचेर जावंक ना, अशें ग्रोसी हांणी सांगलें. सुरक्षा मंडळाचे आपत्कालीन बसकेंत, राफेल ग्रोसी हाणी हि म्हायती दिली.

Ashwini Vaishnav -

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव सध्या रशियेंतल्या सेंट पीटर्सबर्ग शारांत चालू आशिल्ल्या आंतरराष्ट्रीय अर्थीक मंचा खातीर रशियेक भेटेर आसात. ताणी आयज साउदी अरेबियाचे येरादारी मंत्री सालेह अल जस्सर हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी केली. तशेंच रेल्वे मंत्री वैष्णव हांणी रशियन रेल्वेचे सीईओ ओलेग बेलोझेरोव वांगडा बसका घेतली. हे वेळार ताणी सांगले,

नीरज - 50

स्टेड सेबास्टियन शारलेटी हांगा काल जाल्ले, पॅरिस डायमंड लीग 2025 सर्तींत भारताचो स्टार नीरज चोपडान, दादल्यांच्या भालाफेक सर्तींत जैत मेळयलें. दोन फावटीं ऑलिंपिक पदक जिखपी चोपडान, पयल्या यत्नांत 88.16 मीटराच्या सर्वोत्तम प्रयत्नांनी खिताब जिखलो. जर्मनीचो ज्युलियन वेबर हाणे 87.88 मीटर भालो फेक करून, दुसरो क्रमांक मेळयलो.

हवामान - 80

भारतीय हवामान खात्यान मध्य प्रदेश, उदेंत उत्तर प्रदेश आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांनी, आयज घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेच उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, छत्तीसगढ़, झारखंड, अंदमान आनी निकोबार जुंवे, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, अस्तंत उत्तर प्रदेश आनी उदेंत राजस्थानांत लेगीत आयज व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र

आनी गुजरात हांगा काय प्रमाणात पावस पडपाचो अदमास आसा. आयएमडीन सांगलें, कि केरळ, लक्षद्वीप आनी तेलंगना ह्या वाठारांनी आयज जायत्या सुवातींनी कमी ते मध्यम प्रमाणात, पावस आसतलो.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आयज विशाखापत्तनमांत तीन लाखांवयर, लोकां वांगडा योग करून, 11व्या आंतरराष्ट्रीय योग दीस निमतान राष्ट्राचें फुडारपण केले.
- इस्रायल आणि इराण हांचेमदी सुरू आशिल्या संघर्षाक लागुन, ऑपरेशन सिंधु खाला, इराणांतल्या 517 भारतीय नागरिकांक आतां मेरेन मायदेशात हाडल्यात.
- भारतीय हवामान खात्यान मध्य प्रदेश, उदेंत उत्तर प्रदेश आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांनी, आयज घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.
- पॅरिस डायमंड लीग 2025 सर्तींत, भारताचो स्टार नीरज चोपडान, दादल्यांच्या भालाफेक सर्तींत जैत जोडलें.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार